# खण वाठारांत उदका पूरवण चालू दवरपाचो आदेश

ता.29 मार्च 2018
8 चैत्र 1940

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिका-यान सगळया खण लीजधारकांक खण वाठारालागच्या गावांक जशें आदीं नित्यनेमान पियेवपाचे आनी शेतीखातीर उदग सोडटाले, तशेंच हया फुडेंय उदक सोडप चालू दवरपाचो सशर्त आदेश जारी केला. तशें न करपी लीजधारकांक 2 एप्रिल 2018 दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिका-यामुखार हजर रावन कारण दिवचे पडटले आनी आदेशाचे पालन न केल्लेखातीर कायदेशीर कारवायेक तोंड दिवचे पडटले.